**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं ग्रामीण शाळांक टॅब वाटप**

ता. 4 ऑक्टोबर 2024

आपल्या भुरग्यांक सरकारी शाळांनी धाडपा बाबतीत आयज पालकांचो कल बदलता. पालक आपल्या भुरग्यांची सरकारी शाळांनी नावनोंदणी करपाक इत्सुक आशिल्ल्याचें दिसून येता कारण सरकारी शाळांनी शिक्षणाचो दर्जो वाडला, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. मुख्यमंत्री आयज पर्वरे कौटिल्य भवनात ग्रामीण वाठारांतल्या सरकारी शाळांक टॅब वाटपाच्या कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या शाळांक टॅब दिवपाचो इन्फोसिस स्प्रिगबोर्ड ली. हांचो हो उपक्रम गोंयच्या शिक्षण क्षेत्रांतलो एक म्हत्वाचो क्षण आसून खास करून ग्रामीण वाठारांतल्या सरकारी शाळांतल्या विद्यार्थ्यांची डिजिटल कुशळटाय वाडपाक ह्या उपकरणाचो उपेग जातलो, अशें सांगलें. आयज डिजिटल तंत्रज्ञान हे शिक्षणाच्या मळार आवश्यक भाग जाल्लो आसा. शालेय विशय समजून घेवपाक अशां उपकरणांची मजत जाता अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान विद्यार्थ्यांनी नवीन कॅरिअर संदी सोदपाचे आवाहन केले.

शिक्षण सचीव श्री. प्रसाद लोलयेंकर हांणी सरकार विद्यार्थ्यांक कुशळटाय शिक्षण दिवपाक सगळें तरेन प्रयत्न करता आनी इन्फोसिस स्प्रिगबोर्ड ली.च्या टॅब दिवपाच्या आनी प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम उपक्रमाचो विद्यार्थ्यांक चड फायदो जातलो अशें सांगून महाराष्ट्र आनी कर्नाटका प्रमाण गोंयांतय शाळां खातीर स्किल लॅब दिवपाचो विचार करपाक इन्फोसिसच्या अधिकाऱ्यांक सांगलें.

इन्फोसिसचे अधिकारी श्री. संतोष अनंथपूरा हांणी गोंयान शिक्षणाच्या मळार केल्ल्या प्रगतीचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्याचे अभिनंदन केले आनी शाळांक दिल्ल्या टॅबांनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण-2020 अभ्यासक्रमाचो आस्पाव आशिल्ल्याची म्हायती दिली.

सुरवातीक शिक्षण संचालक श्री. शैलेश झिंगडे हांणी येवकाराचे उलवप केले. इन्फोसिसचे अधिकारी मिनाक्षी एस. गोंय समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक डॉ. शंभू घाडी, उच्च शिक्षण संचालक भुषण सावयकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें

शिक्षण खात्याचे उपसंचालक मनोज सावयकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/547

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.